## 1 ऑक्टोबराक आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस

ता. 29 सप्टेंबर 2025

समाज कल्याण संचालनालया वतीन 1 ऑक्टोबर 2025 दिसा राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा “आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस” मनोवपात येतलो. सकाळीं 10.30 वराचेर कार्यक्रमाक सुरवात जातली. ह्या कार्यक्रमात 70 वर्सां पिराये वयल्या 14 उत्कृश्ट ज्येश्ठ नागरिकांचो शाल, श्रीफळ, प्रशस्तीपत्र, यादस्तिक आनी रोख 5 हजार रूपया भेटोवन सत्कार करपात येतलो.

कार्यक्रमाक कृशी मंत्री श्री. रवी एस. नाईक, समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, समाज कल्याण सचीव श्री. सरप्रित सिंग गील आनी संचालक श्री. दीपक एस. देसाय उपस्थित आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/789

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.